राजश्री कामत  प्रादेशिक खबरो ०८.०१.२०२५ @ ७.२५

**जावडेकर  50**

राज्याच्या नव्या लोकायुक्तांची घोशणा आज मेरेन जातली.  बसकेंत दोन नांवांचेर चर्चा जाल्या. आज मेरेन लोकायुक्तांची घोशणा करतले, अशी म्हायती  मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. बसकेक विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हाजीर आशिल्ले. लोकायुक्तपद जायते म्हयने  रितें आशिल्ल्यान आडकून उरिल्ल्या कागाळिंचो आंकडो वाडतूच आसा. लोकायुक्तांची घोशणा बेगीनूच करतले, अशी म्हायती विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी दिली.

१००

12-16 जानेराक जावपी शियाळी अधिवेशनात भु महसुल कायदो दुरूस्ती विधेयक,goa institute of management खासगी विद्यापीठ विधेयक,मोपा विमानतळ विकास प्राधीकिरण विधेयक,गोंय जनविस्वास दुरूस्ती विधेयक मांडटले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले.
Byte cm uni

मंत्रीमंडळाच्या बसकेत भु सर्वेक्षण खात्यात 157 सर्वेयर आनी 1 अतीरीक्त संचालक पदाची भरती करपाचो निर्णय जाला. ही पदा गोय कर्मचारी भरती आयोगावरवी जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. हे शाविय बिरसा  मुंडा  जयंतीच्या फांटभुयेर आयोजित केल्ल्या कार्यावळीक 16 कोटी रूपयाची ex post facto मान्यताय मंत्रीमंडळान दीला. मडगांवचे रविंद्र भवनाचे नुतनीकरणाखातीर  साडे चार कोटी रूपया खर्च करपाक लेगीत ह्या बसकेत मान्यताय दीला.byte cab

**१३५**

ग्रीन रे फावंडेशना वतीन पणजे १० जानेवारीक ग्रीन ग्लो महोत्सवाचें आयोजन केलां. पाटो संस्कृती भवनांत दिसभर चलपी ह्या महोत्सवांत चित्रपट प्रदर्शन, हरित कुशळटाय, व्हिडिओ ऍडिटिंग कार्यशाळा, पोस्टर प्रदर्शन आनी हेर कार्यावळी आसतल्यो.
महोत्सव गोवा जैव विविधता मंडळ आनी कला आनी संस्कृती खात्याच्या सहकार्यान आयोजीत केला. ह्या वेळार सुहास प्रेमकुमार दिग्दर्शीत लिट्‌ल प्लॅनेट हो पुरस्कार फावो जाल्लो चित्रपट तशेंच आरती कुलकर्णी हांचो ऑलिव्ह रिडले कासवांचेर लघुपट दाखयतले. नीरज प्रभु व्हिडिओ एडिटिंग कार्यशाळा घेतले. जाल्यार सांजेवेळार मंडळाचे अध्यक्ष डॉ. प्रदीप सरमोकादम हांचें उलोवप  जातलें.ते भायर पर्यावरण क्षेत्रांतल्या योगदाना खातीर सर्गेस्त मारिया पिंटो हांच्या

उगडासाक 'ग्रीन कमिटमेंट ॲवॉर्ड' ॲलेक्सिस फर्नांडीस हांका भेटयतले. हो महोत्सव सगळ्यां खातीर उक्तो आसून प्रवेश शुल्क ना अशी म्हायती आयोजकांनी दिल्या.

रश्मी ९५

world peace university हे विद्यापीठ संप्टेबर म्हयन्यासांवन गोंयात थिवी सूरू जातली. सुरवेक 500 विद्यार्थ्यांक 10 वी अभ्यासक्रमावरवी शिक्षण दीतले. जाल्यार एका विद्यार्थ्याक 7.5 लाख फी आसतली. ह्या अभ्यासक्रमात अभियिंत्रीकी,designs, liberal art, journalism तशेंच हेर विशयाचो आसपाव आसा. ह्या अभ्यासक्रमा वेलार europe and asia वरवी शेक्षणीक भोंवडी, तशेंच भारतातल्या 5 राज्यात शैक्षणिक दौरे जातले अशी म्हायती विद्यापिठाचे राहुल कराड हांणी दील्या. गोंयात एक बरे शिक्षणीक केंद्र जावपाची ताक आसा अशे ह्यावेळार wpu चे कार्यकारी अध्यक्ष राहुल कराड हांणी म्हणले.विद्यापिठात 25 गुणेस्त विद्यार्थ्याकं शिश्यवृत्ती दीतले अशी म्हायती तांणी हेवेळार दील्या.

Rashmi 65

अनुसुचित जाती आनी ओबीसी कॉर्पोरेशनाच्या माध्यमांतल्यान रिणाचो लाव घेतिल्ल्या सुमार 500 अनुसुचीत जाती आनी ओबीसी लावार्थ्यांक गोंयच्या मंत्रीमंडळान एकठांय केल्ल्या रिणाच्या व्याजांतल्यान ₹3.20 कोटी रुपयांची माफी मान्य केल्या. लावार्थ्यांनी ल्हान रीण घेतिल्लें, सुमार 25 ते 30 वर्सां आदीं पूण मुळावें आनी व्याज परत करपाक अपेस तांका आयील्लेयलें, ताचे उपरांत तांचे आड केशी दाखल जाली.आतां लावार्थ्यांक फकत मुळावी रक्कम परत करची पडटली, जी ₹5,000 ते ₹10,000 मदीं आसा.

RBI 45

नियामक आवश्यकतांचे पालन न केल्याबद्दल रिझर्व्ह बँकेन ३५ नॉन-बँकिंग वित्तीय कंपन्यांचे (एनबीएफसी) नोंदणी प्रमाणपत्र रद्द केला. RBI न म्हणला की या कंपन्यांक आता नॉन-बँकिंग वित्तीय संस्थांचो व्यवसाय करपाची परवानगी ना कसलोच आर्थिक व्यवहार करपा आदी आरबीआयन जनतेक वित्तीय संस्थांची नियामक स्थिती पडताळपाचो सल्लो दिला .

**हवामान ३०**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज  पणजेत चडात चड तापमान ३3 .7 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे  तापमान १९.2  डिग्री  सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच फुडले काय दिस  राज्यत हवामान सुकें आसतले. आणि काय प्रमाणत धुके पात्ळू येता

खेळ २०

दीवांत चालू आशिल्ल्या खेळो इंडिया बीच गेम्साच्या बीच व्हॉलीबॉल सर्तींत गोय  पंगडान गुजरात पंगडांक हारयलो जाल्यार दुसरे लडतीन  गोंयान राजस्थान  पंगडाचो  पराभव केलो.

हवामान  25

फाटले कांय दीस गोंयांत शीं वाडलां. पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण  पणजेत चडात चड तापमान ३3 .8 डिग्री  सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे  तापमान १७.5  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

स्पोर्ट्स 20

चेन्नयांत जाल्ल्या 11व्या राष्ट्रीय सिनियर लागोरी चॅम्पियनशिपांत दादल्यांच्या गोंय पंगडान वास्तद्पण जीखले जाल्यार बायलांचो पंगड उपविजेतो थरालो.